## विदेश वेव्हार मंत्रालयान इंटर्नशिप कार्यक्रमाखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 3 मार्च 2022

विदेश वेव्हार मंत्रालयान स्वातंत्र्याच्या 75 व्या वर्सानिमतान आझादी का अमृत महोत्सवाचो एक भाग म्हूण इंटर्नशिप पदांखातीर अर्ज मागयल्यात.

विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या मुख्यालयातल्यो इंटर्नशिप सामान्यतः भारतीय नागरिकांखातीर उकत्यो आसतल्यो जांचे कडेन अर्ज करपाच्या वेळार मान्यतायप्राप्त विद्यापीठातल्यान पदवीधर पदवीची शिक्षणीक पात्रताय आसतली. इंटर्नशिप पदवीच्या निमण्या वर्सात आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांखातीर लेगीत उकती आसतली, जंय इंटर्नशिप जांच्या निमण्या वर्साच्या अभ्यासक्रमाचो अनिवार्य भाग आसा. इंटर्नशिप वर्साच्या 31 डिसेंबर दिसा उमेदवारांची पिराय 25 वर्सापरस चड आसची न्हय.

2022 त एप्रिल ते जून 2022 ह्या तीन म्हयन्यांच्या एकाच काळांत वट्ट 75 इंटर्नशिप दिवपात येतल्यो. निवड जल्ल्या सगळ्या इंटर्न्सांनी एप्रिल 2022 त त्याच दिसा मंत्रालयात सामील जावप आवश्यक आसा. प्रत्येक इंटर्नलाक एका कामाखातीर कमीत कमी एक म्हयनो आनी चडांत चड तीन म्हयन्यांखातीर नियुक्त करतले.

मंत्रालय आनी विदेश धोरण देशाच्या सगळ्या वांठारांतल्या लोकांच्या लागी व्हरप तशेंच लिंग, वंचित वर्ग, भुगोलीक अधिवास आनी शारी-ग्रामीण भागांतल्या उमेदवारांक प्रतिनिधित्व दिवप हो कार्यक्रमाचो उद्देश आसा. वेगवेगळ्या टप्प्यांचेर SC/ST/OBC/EWS वर्गातल्या उमेदवारांक निवड प्रक्रियेत प्राधान्य दितले.

अर्ज, छाननी, निवड, विभागाचे वाटप, अधिसूचोवणी आनी हेर सगळीं निवड प्रक्रिया www.internship.mea.gov.in चेर ऑनलायन आसतली. प्रत्येक उमेदवारान इंटर्नशिप पोर्टलाचेर नोंदणी करप आवश्यक आसा आनी प्रक्रियेत सहभागी जावपाखातीर प्रवेश प्रमाणपत्रा मेळोवप आवश्यक आसा.

निवड प्रक्रियेत मुळावी चाचणी आना मुलाखत अशें दोन टप्पे आसतले. ही प्रक्रिया 'कोटा कम वेटेज' प्रणालीचे पालन करून जातली जे वरवीं सगळीं 28 राज्यां आनी 8 केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या अर्जदारांचो विचार जातलो. प्रत्येक राज्यांतल्यान आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्यान प्रत्येकी 2 इंटर्न आनी TADP जिल्हयांतल्यान/समाजाच्या वंचित घटकांतल्यान चडांत चड गुणांसय 3 अदीक इंटर्नआसतले. 75 इंटर्नशिपात कमीत कमी 30% महिला उमेदवारांक प्रवेश आसतलो.

गुणवत्ता वळेरींत निवड जाल्ल्या उमेदवारांक व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगवरवीं वैयक्तिक मुलाखतीखीर आपयतले. मुलाखत प्रक्रियेतल्यान चडांत चड 75 उमेदवार निवडटले आनी तांकां इंटर्नशिप ऑफर करतले. निवड जाल्ल्या खंयच्याय उमेदवारान निवड रद्द केली जाल्या त्या राज्यातल्या गुणवत्ता वळेरींतल्या फुडल्या उमेदवाराक संद दितले.

मूलभूत खर्चाखातीर प्रत्येक इंटर्नराक प्रत्येक म्हयन्यात 10,000 रूपया मानधन दितले. तशेंच एकवेळ राज्याची राजधानी आनी दिल्ली मजगतीचो विमान प्रवासाचो खर्च दितले.

चड म्हायती खातीर इत्सुक उमेदवारांनी मंत्रालयाच्या www.internship.mea.gov.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/148

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji